**भविश्य सुरक्षीत करपा खातीर शेती वेवसायक प्राधान्य दिवपाची गरज- रवी नाईक**

ता. 16 ऑक्टोबर 2023

भारत हो कृशीप्रधान देश आसून देशातल्या जनतेची खाणा-जेवणाची गरज पूर्ण करपा खातीर शेती वेवसाय म्हत्त्वाचो आसा आनी त्या खातीर आयच्या युवकांनी आपल्या पुर्वजांची जमीन लागवडीखाला हाडून राज्याक तशेंच देशाक अन्नधान्याबाबातीत स्वयंपूर्ण करपा खातीर योगदान दिवपाचो उलो कृशीमंत्री श्री. रवी नाईक हांणी मारला.

संवसारीक अन्न दिसानिमतान कृशी विज्ञान केंद्र, दक्षीण गोंय आनी कृशी संचालनालय हांच्या जोड पालवान दुर्गा फार्म चिंचीणी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात कृशीमंत्री उलयताले.

श्री.नाईक हांणी सांगलें, कृशी संचालनालय शेतकारांक शेती लागवडी खातीर सगळें तरेची मदत करता, पुण तरी आसतना राज्यांत कृशी उत्पादनात जाय तशी वाड जाल्ली दिसना. गोंय हे ल्हान राज्य आसा आनी जर राज्यातली सुपीक जमीन पडंग दवरली वा हेर वेवसाया खातीर वापरली जाल्यार फुडारात गोंयच्या लोकांक गंभीर परिणाम भोगचे पडटले. त्या खातीर चडात चड शेत जमीन लागवडीखाला हाडून आपल्या फुडल्या पिळग्यांचे भविष्य सुरक्षीत करपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मंत्री श्री.नाईक हांच्या हस्तुकीं कृशी संचालनालयाच्या दुर्गा फार्मात लागवड करपात येवपी मँगो जीन बँक आनी फॉडर काफेतारियाचें उक्तावण जाले. मँगो जीन बँकेक लागून शेतकारांक गोंयच्या वेगवेगळ्या आंब्याच्या जातीची कलमां मेळपाक मदत जातली तशेंच नामशेष जावपाच्या वाटेर आशिल्ल्या पारंपारिक आंब्याच्यो प्रजातीय उपलब्ध जातल्यो, अशें तांणी सांगलें.

नावेलीचे आमदार आनी कदंब येरादारी म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. उल्हास तुयेंकर हांणी शाश्वत उपजीवीकेचे साधन म्हूण राज्यातल्या शेती वेवसायाचे पुनरुज्जीवन करपाची अत्यंत गरज आशिल्ल्याचें मत व्यक्तकेले.

वेळ्ळीचे आमदार श्री.क्रूझ सिल्वा हांणी शेतकारांनी शेती संचालनालयाच्या येवजणांचो लाव घेवन शेती लागवडीक प्राधान्य दिवपाची गरज उक्तायली.

कृशी संचालक श्री. नेव्हिल आल्फान्सो हांणी दुर्गा फार्मातल्या मँगो जीन बँक आनी हेर उपक्रमांची म्हायती दिली.

ह्या वेळार कृशी विज्ञान केंद्रावतीन आयोजीत शेतकरी अभ्यासक्रम पूर्ण केल्ल्या उमेदवारांक प्रमाणपत्रांचे वाटप केले.

चिंचणीचे सरपंच श्री. व्हॅलेंटिनो बार्रेटो, जिल्हा पंचायत सदस्य श्री. ज्युलिओ फर्नांडिस. फा. जॉर्ज कार्दोज, विभागीय कृषी अधिकारी श्री. शेरीफ फुर्तादो, सारझोराचे सरपंच श्रीमती रिवोना फर्नांडिस ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

श्री.शिवराम गावकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले. श्रीमती जेनिस अल्फान्सो हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/805

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.